# राज्यपालाकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं

ता. 4 सप्टेंबर 2018
13 भाद्रपद 1940

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी शिक्षक दिसानिमतान गोंयच्या सगळयां शिक्षक वर्गाक आपली हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, आपलो परिश्रम आनी समर्पित शिकवणीतल्या आमच्या समाजाखातीर योगदान दिवपी शिक्षकाप्रती आदराची भावना व्यक्त करपाखातीर 5 सप्टेंबराक शिक्षक दीस मनयतात. तशेंच 5 सप्टेंबर हो शिक्षणतज्ञ, विचारवंत आनी भारताचे आदले राष्ट्रपती डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांचो जल्म दिस आसा. तांचे लागीचे मित्र पंडित जवाहरलाल नेहरू हांणी डॉ. राधाकृष्णन हांच्या बाबतीत एकदा म्हणले, तांणी अनेक पदांवयल्यान देशाची सेवा केल्या. पूण म्हत्वाचे म्हळयार ते एक म्हान शिक्षक आसात आनी तांचे कडल्यान आमी सगळें भरपूर शिकल्यात आनी शिकपाचे चालू आसतले. राष्ट्रपती म्हूण तांचे सारखे म्हान तत्वज्ञानी, शिक्षणतज्ञ आनी मानवतावादी मेळप हे आमचे भाग्य जावन आसा, जाचो आमी सन्मान आनी आदर करतात.

राज्यपाल फुडे म्हणटा, शिक्षक वा गुरू आमच्या जीणेत चड म्हत्वाची भुमिका निभायता. मनशाखातीर ही एक व्हड सेवा आनी उदात्त पेशा आसा, जे हेरांक आपले ज्ञान आनी कुशळताय दिवन समाजाखातीर मोलादीक योगदान दितात. आमच्या जीणेत आमका वेगवेगळे शिक्षक वा गुरू मेळटात. प्रत्येकाच्या जीणेत आवय ही पयली शिक्षिका आसता, जी न्हय फकत आमका हया संवसारात हाडटा तर आमचे पालन-पोशण करून आमका वाडयता आनी जीणेतल्या आव्हांनाक तोंड दिवपाक सक्षम करता. उपरांत शाळां आनी महाविद्यालयांतले शिक्षक जे आमची जडण-घडण करता आनी जीणेतल्या कॅरीयराखातीर आनी सुखी जीणेखातीर निपूण करतात. ते खातीर शिक्षक दीस हो शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांमदल्या नात्याचो आनंद मनोवपाक आनी भुरग्यांक आपले मातेप्रती आनी विद्यार्थ्यांक आपल्या शिक्षकांप्रती आदर उक्तावपाक योग्य दीस आसा. राष्ट्रबांदणीखातीर शिक्षकांची भुमिका म्हत्वाची आनी गरजेची आसा आनी ते खातीर आमी शिक्षकांप्रती आदर आनी कृतज्ञता व्यक्त करतात, अशें राज्यपाल म्हणटा.

राज्यपालान गोंय राज्यातल्या शिक्षकांक आपल्या पेशाकडेन समर्पित जावन जबाबदारी, प्रामाणिकपणा आनी दूरदृश्टीच्या नव्या भावनेन आपले कर्तव्य निभावपाचो उलो मारला.